# **दक्षीण गोंयांत दक्षताय जागृताय सप्तक पाळ्ळो**

ता. 27 ऑक्टोबर 2020

दक्षीण गोंय जिल्हा प्रशासन माथानी साल्डाणा कार्यालय प्रकल्पात आयज दक्षताय जागृताय सप्तका निमतान आयोजीत कार्यक्रमात अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. सुरेंद्र नाईक हांणी प्रकल्पातल्या वेगवेगळ्या कार्यालयांतले अधिकारी आनी कर्मचाऱ्यांक पारदर्शकता आनी एकात्मतेचो सोपूत दिलो. राज्यांत 27 ऑक्टोबर ते 2 नोव्हेंबर 2020 मेरेन दक्षताय जागृताय सप्तक पाळपात येतले.

एकात्मतेच्या वाडिखातीर कटीबद्द जावप आनी लोकांमदीं भ्रश्टाचाराच्या वायट परिणामांविशीं जागृताय करप हो दक्षताय जागृताय सप्तकाचो उद्देश आसा. दर वर्सा दक्षताय जागृताय सप्तक पाळपात येता आनी एकात्मते खातीर वळखूपात येवपी सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंती दिसाचो हो एक भाग जावन आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/619

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji